प्रादेशिक खबरो राजश्री कामत 27.05.2025 @ 7.25 am

आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा विभागा वरवी राजश्री कामत तुमका प्रादेशिक खबरो दीता.

रश्मि 200

आंतरराष्ट्रीय योग दिसाच्या फाटभुएर मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी मंत्रालयांत वेगवेगळ्या खात्याच्या सचीवां कडेन बसका घेतली. 21 जुनाक भारतात 10 वो योग दिस मनयता. हे फाटंभुयेंर गोंयांत लेगीत 30 हजार सुवातीनी योग दिसांची कार्यावळ जातली. ग्रामपंचायत, नगरपालिका, शाळा, म्हाविद्यालया, सरकारी कार्यालया तशेचं हेर वाटारांनी 21 जुनाक योग दिसाच्यो कार्यावळी आयोजित जातल्यो अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. सरकारी कर्मचार्यांनी लेगीत योग दिसाच्या कार्यावळीत वाटो घेवप सक्तीचे आसा i am karmayogi ह्या संकेतथलाचेर वचुन योग दिसांत वाटेकार जावपाची नोंदणी सरकारी कर्मचार्यांनी करची अशें ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सरकारी कर्मचाऱ्यांक सांगला. हे शिवाय गोंयातं येवपी पर्यटक आनी हॉटेलानी लेगीत योग दिसाच्यो कार्यावळी आयोजित करच्यो अशे आवाहन मुखेलमंत्र्यान केला. 9 जुनाक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या सरकाराक 11 वर्सां पुराय जाता. हे फाटंभुयेंर वेगेवगल्या कार्यावळीचे आयोजन लेगीत राज्यात जातले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या. हे शिवाय हालीच दिल्ली जाल्या cm conclave विशी मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हायती दिली. ३१ मार्च २०२६ मेरेन देशाक नक्षलवाद मुक्त करपाचे थारला.

हे शिवाय भारतात लागु केल्लया आणीबाणीच्य काळाक अंदु ५० वर्सां पुराय जातात, ते फांटभुयेंर देशाच्या इतिहासात हो दिस काळो दिस कित्याक थारलो ते विंशी भाजपा पक्ष खासा कार्यावळी आयोजित करुन लोकांमदी जागृताय करतले तशेच राज्यांत आंतरराश्ट्रीय योग दीस उमेदीन मनयतले आनी फुडारा खातीर निरोगी जिणे पद्दत आपणायतले अशें मुख्यमंत्र्यांनी सांगलें.

रश्मि 160

गोंयांत आंतराश्ट्रीय पर्यटकांक आर्कर्शित करपाक global standard दर्जाचे एक बेसबरे पर्यटन थळ सरकार बेगीनुच तयार करतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिला. हे शिवाय 2030 मेरेन गोंयांक लागीप उर्जेचो 50 टक्के वाटो हो हरीत आनी पर्यावरण पुरक स्त्रोताचो उपेग करुन उर्जा निर्मिती करपाची मोख राज्य सरकारान दवरला अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या. दिल्लीत हालीच निती आयोगांची बसका जाली. ह्या बसकेची म्हायती दितना मुकेलमंत्र्यान संबंधित म्हायती दिली. गोंयच्या खाजन शेतींक पुर्नजिवीत करपाच्या फांटभुयेंर केंद्र सरकाराचे एक शिश्टमंडळ गोंयच्या खाजन शेतीची प्रत्यक्ष येंवन पलोवणी करतले. ते उपरांत ह्या शेतीक पुर्नजिवित करपाक सरकाराक लागपी आर्थिक तशेचं तंत्रिक मजत केंद्र सरकार राज्य सरकाराक दितले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिली. हे शिवाय जागतिक , तशेंच थळाव्या पावंड्यावेल्या गुंतणुकदारांक उद्देग करपाक माची दिवप, अमृत सरोवर येवजणेवरवी गांवातल्यो बांयो आनी उदकांची सैमिक स्त्रोतांचे संवर्धन करप, मनीसबळ कुळशटायेचे तरणाट्यांक प्रशिक्षण, डीजीटल साधन सुविधा तयार करप, आप मजत गटांच्या बायलांक सक्षम करप, ह्या विशयाचेर लेगीत निती आयोगाच्या बसेकत चर्चा जाल्याची म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.

गणेश 100

राज्यांतल्या बी. एड. अभ्यासक्रम प्रवेशा खातीरची हंगामी गुणवत्ता वळेरी 28 मेक जाहीर जातली. ३२० सुवातां खातीर १०१८ प्रवेश अर्ज आयल्यात, अशी म्हायती उच्च शिक्षण संचालक भूषण सावयकार हांणी दिली.

पद्वी उपरांतच्या दोन वर्सांच्या बी. एड. अभ्यासक्रमा खातीर २५ एप्रील सावन अर्ज स्विकारपाक सुरवात जाल्ली. ज्या विद्यार्थ्यांनी पद्वीच्या निमाण्या वर्साची परीक्षा दिल्या तांणीय अर्ज केल्यात. राज्यांत तीन महाविद्यालयांनी बी. एड .अभ्यासक्रम आसा. 28 मेक डीएचईचे वेबसायटीचेर हंगामी गुणवत्ता वळेरी जाहीर करतले. 29 आनी 30 मेक गुणवत्ता वळेरे विशीं कागाळी आसल्यार त्यो सुटावयो करतले. इमेला वरवीं कागाळी सादर करपाची इत्सुकांक मेकळीक आसा.निमाणी गुणवत्ता वळेरी 2 जुनाक जाहीर करतले. ४ जून ते ६ जून मेरेन प्रवेशा खातीरचे कावंसिलींग जातलें.

हवामान 100

उत्तर गोंय आनी दक्षिण गोंयांत हलको ते मध्यम पावस पडतलो आनी वराक ४०-५० किमी वेगान वारे व्हावपाची शक्यता आसा. अरबी दर्यावेले ढग पेडणे, महापसा, तिसवाडी, मुरगांव आदी दर्यादेगेवेल्या तालुक्यांलागीं पावपाक लागल्यात. ढग आग्नेये वटेन वचत आशिल्ल्यान हेर तालुक्यांचेर ताचो परिणाम जावपाची शक्यताय आसा. ह्या वादळी मोसमात, हवामान खात्यान काय सूचना दिल्यात. गडगडाच्या वेळार उक्त्या जाग्यार आनी शेतांत काम करप टाळचें. गडगडाच्या वेळार उंच झाडां आनी इमारती सकयल आलाशिरो घेवप टाळचें. वीज आनी खर वारें येतना वीज लायनी आनी दुबळ्या इमारतीं पासून पयस रावचें. विद्युत उपकरणां वापरप टाळचें. उपकार करून आयएमडीन जारी केल्ल्या नवीनतम अदमास आनी म्हायती कडेन अद्ययावत रावचें

आणि इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपलयो. आमचयो मुखवेलयो प्रादेशिक खबरो आयकात सांजेच्या 7.20 मिनिटांचेर. नमस्कार